# राष्ट्रीय वेंचणूक प्रस्नोत्तरी सर्तीत पिपल्साच्या पंगडाक येस

ता. 19 जानेवारी 2018
29पौष 1939

भारतीय वेंचणूक आयोगान नवी दिल्लीत आयोजित राष्ट्रीय वेंचणूक प्रस्नोत्तरी सर्तीत गोंय राज्याचे प्रतिनिधीत्व केल्ल्या पिपल्स उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या सचिन पाणीकर आनी अश्लेषा नायक हया विद्याथ्यांनी पर्जळीत येस मेळयले. आयोगान अकरावी आनी बारावीच्या विद्याथ्यांखातीर ही सर्त आयोजित केल्ली. गोंयान राष्ट्रीय पातळीचेर सर्तीत पाचवे स्थान आनी 50,000/- चे बक्षिस मेळयला.

देशातल्या भावी युवा मतदारांचे सशक्तीकरण आनी वेंचणूक प्रक्रियाची जाणीव निर्माण करपाच्या उद्देशान हया सर्तीचे आयोजन केल्ले.

नवी दिल्लीत 14 ते 16 जानेवारी 2018 मेरेन आयोजित केल्ल्या सर्तीच्या विभागीय आनी अंतिम फेरयेचे राज्यसभा टीव्ही चॅनलावयल्यान प्रसारण करतले.

पिपल्स उच्च माध्यमिक शाळेच्या पंगडाक शिक्षक नागेश एस. सरदेसाय हांणी मार्गदर्शन केले.